**Panaji Regional 31ST December 2025 7.20 pm**

गोंयचे राज्यपाल पुसपती अशोक गजपती राजू हांणी नवें वर्स 2026 च्या निमतान गोंयकारांक आनी संवसारभर रावपी सगळ्या गोमंतकी लोकांक शुभेच्छा दिल्यांत.नवे वर्स हो नूतनीकरण, आशेचो आनी नवी सुरवातीचो काळ अशें राज्यपालान आपल्या संदेशांत सांगलां. आमच्या प्रवासाचेर चिंतन करपाची संद मेळटा, आमच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाची कदर करपाची आनी शांतताय, समेट आनी सामुहीक प्रगती खातीर आमची वचनबद्धताय घटमूट करपाची संद मेळटा."हांव लोकांक नव्या आनी व्हडल्या ध्येयां खातीर यत्न करुंक सांगतां. आमच्या वांटून घेतिल्ल्या प्रवासाचेर चिंतन करुंक एक खीण थांबया आनी नव्या वर्साक २०२६ वर्साक नव्यान आशेन आनी आत्मविस्वासान येवकार दिवपाक स्वताक तयार करूया,' अशें तांणी जोडलें. येवपी वर्स दर एका घरांत सुख, शांती आनी समृध्दी हाडूं. आमी एकवट, समर्पण आनी कल्याणा खातीर वचनबद्धतेन एकठांय मुखार वचूंया अशें राज्यपालान आपल्या संदेश म्हणला.

मजगती मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी राज्यांतल्या लोकांक नव्या वर्साच्या परबीं दिल्यांत. येवपी वर्स दर एका गोमंतकीच्या जिवितांत शांतताय, समृध्दी, बरी भलायकी आनी सुख मेळटलें अशी आस्त तांणी उक्तायली. राज्यभरांत वेगवेगळीं कल्याणकारी येवजण्यो आनी उदरगतीचे उपक्रम प्रभावीपणान चालीक लावपा खातीर सरकाराच्या यत्नांक आदार दिवपाचें आवाहन डॉ.सावंत हांणी आपल्या संदेशांत नागरिकांक केलां. उदरगतीक गती दिवपाक, भौशीक सेवा घटमूट करपाक आनी उदरगतीचो फायदो समाजांतल्या सगळ्या वर्गांमेरेन पावचोखातीर लोकांचो सामुहीक सहकार गरजेचो हचेर तांणी भर दिलो. एक लवचीक आनी प्रगतीशील गोंय बांदपाची सरकाराची वचनबद्धताय परतून सांगून मुख्यमंत्र्यान गोमंतकीयांक 'स्वयंपुर्ण गोंय' मोहिमेंत सक्रीयपणान वांटो घेवचो आनी चड आत्मनिर्भरताये खातीर यत्न करचो असो उलो मारला. व्यक्ती, समाज आनी थळाव्या शासन संरचनेक सशक्त करप, टिकावू उदरनिर्वाहाक चालना दिवप आनी एकंदर जिणेचो दर्जो सुदारप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें.

सरत्या वर्साक निरोप दितना आनी नव्या वर्साक येवकार दितना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी २०२६ ह्या नव्या वर्साची समेस्त गोंयकारांक परबी दिल्या. गोंयकारांक हे वर्स सुखाचे, समृद्धीचे आनी भरभराट करपी थारु अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.गोंयांत येवपी बऱ्या उपक्रमांक गोंयकारांनी तेको दिवचो अशे म्हणला. सकारात्मक दृश्टीकोनातल्यान ह्या वर्साची सुरुवात करची. नवे वर्स हे गोयांखातीर बरे वर्स थारतले असो विस्वास मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

गोंयचो तिसरो जिल्हयाचे नाव कुशावती आसतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या. सांगे, केपे,, काणकोण आनी धारबांदोडा ह्या चारुय म्हालातल्यान ही न्हंय व्हावता, कुशवती हें नांव ह्या वाठाराचें पुर्विल्लें भौगोलिक दायज आनी संस्कृतीक अस्मिताय दाखयता ही न्हय दक्षीण गोंयच्या नागरीकांच्य काळजाकडे जोडील्ली न्हंय ,अशें सांगून सावंत हांणी ह्या

न्हंयेन शेंकड्यांनी वर्सां चार तालुक्यांच्या जिविताक, उदरनिर्वाहाक आनी पर्यावरणाक आकार दिला अशें मुखेलमंत्र्यान सांगलें. ताका लागुन नव्या ल्हयाक कुशावती अशे नाव दिला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. कुशावती जिल्हो ह्यानफुडे गोंयची गिरेस्त संस्कृताय,जैवविविधताय दायज थंळा दाखोवपी

महत्वाचो जिल्हो थारतलो असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला. केपे हें नव्या जिल्ह्याचें मुखेल कार्यालय आसतलें.

धारबांदोडा, काणकोणच्य नागरीकांक केपे येवपाखातीर अंतर कमी जावचो म्हण नवे रस्ते, तशीच चडयेरादारी सुविदा उपलब्ध करतले अशेय मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार स्पश्ट केला. जिल्लो निर्मिती खातीर प्रशासकीय प्रक्रिया पुरायपणान चालीक लावपाक वेळ लागतलो म्हणून मध्यांतर दक्षिण गोंयच्या जिल्होधिकाऱ्याचेर चार तालुक्यांच्या प्रशासनाचो वावर चालूच उरतलो अशे म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या. कुशावती जिल्हो आकांक्षी जिल्लो म्हणून नियुक्त करतले अशें सांगून देशभरांतल्या सुमार 120 आकांक्षी जिल्ह्यांक दरेकीं सुमार ₹15 कोटी अतिरिक्त केंद्रीय निधी मेळ्ळा. हाचो उपेग मुखेलपणान मुळाव्या साधनसुविधांच्या उदरगती खातीर करतले अशे ताणी सागंले.

रस्त्यांक पेव्हर्स बसोवपापुरती वा देवळांक वा हेर आस्थापनांक सांवडाचे स्पीकर दिवपापुरती, वा जिल्हो पंचायतीच्या बसकेके हाजीर लावपापुरती जिल्हो पंचायत वागंड्याचे काम नसता, जाल्यार गावची उदरगत, सरकाराच्यो सुविदा येवजण्यो नागरीकांमेरेन पावोवप, तशेंच सक्षम जिल्हो पंचायत वागंडी, सक्षम गोय करपाचो हेत बाळगुन जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी काम करचे अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी परीशद घरात आयोजित जिल्हो पंचायत वांगड्याच्या सोपुतविदी सुवाळ्यावेळार केला. 16 वित्त आयोगावरवी पंचायत आनी जिल्हो पंचायत क उदरगतीच्या कामांखातीर मेळपी निदीत वाढ जातली. ह्या निदीतल्यान गावांत बरी साघन सुविदा तयार करपाचे काम जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी करचे , ह्यानफुडे थळाव्या, शैक्षणिक संस्तांच्य कार्यावळीनी, ग्रामसभेक हजर रावपाक जिल्हो पंचायत वांगड्याक आमंत्रण सरकार दितले. गावची उदगरत हो केंद्रबिंदु दवरुन गावातली बाजारपेठ, कोयर वेवस्थापन,खाजन शेती पुर्नजिवित करप तशेंच भौशिक साधन सुविदा उबारपाचे काम जिल्हो पंचायत वांगड्यंनी करचे. जिल् पंचायत वागंड्यांक जीपार्ड वरवी प्रशिक्षण दिवन तांका identity card सरकार दितले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

ग्राणीण गोंय , सक्षण गोंय करपाक जिव्हो पंचायत वांगड्न काम करचे अशे आवाहन ह्यावेळार पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी केला. स्वयंपुर्ण गोंय करपाक जिल्हो पंचायत वांगडी महत्वाची भुमिका साकारतले असो विस्वास तांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

ह्यावेळार वेंचुन आयिल्लया 50 सुय जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी आयज गोपनियतेची सोपुत घेतली. कार्यावळीक  मुखेल सचिव वी. कान्दावेलु, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

नव्य वर्साक येवकार दिवपाक आयज गोंयकारांसयत, विदेश तशेचं देश पर्यटकांनी गोंयच्य वेगेवगळ्या वाठारांत हाजेरी लायल्या.  गोंयचे दर्यादेग वाटारा जाल्यार पर्यटकांनी फुलील्ले दिश्टी पडले. खास करुन 31 डिसेंबर 2025 म्हणल्यारुच हया वर्साचो निमणे दिसाचो सुर्यास्त पळोवपाक बऱ्याच जमांनी गर्दी केल्ली पळोवपाक मेळ्ळी. गोंय हे आंतररास्ट्रीय पर्यटन थंळ आशिल्लयान गोंयातं नातालाची परब ते नवे वर्स ह्या काळात सच्ची गर्दी आसता.अंदुय जर पर्यटकांच्य गर्देचे प्रमाण उणे आसले तरीकय बऱ्या दर्जाचे पर्यटकाचो आकडो चड आशिल्याचे चित्र ह्यावेलरा पळोवपाक मेळ्ळे.  हॉटेला, शॅक्स पर्यटकांनी भरील्ले. जाल्यार दर्यादेगासंयत  वेगवगेळ्या खासगी आस्थापनांनी , क्लबांनी new year party ह्या themeचेर खासा पार्टीचे  आयोजन केल्याचे जाणावले.गोंयांत ख्रिस्ती समाजात पोरणाय वर्साक  रेसपेदान निरोप दितना old man करपाची परंपरा आसा गोंयच्य गावगिर्या वाठारांत आजुनुय ही पंरपरा ल्हान ल्हान भुरगी उमेदिन पाळटाना दिसता. ओल्ड मेनाचो पुतळो करुन राती 12 तो लासप आनी नव्या वर्साक येवकार दिवपाची ही आगळी वेगळी पंरपरा दरवर्सा प्रमाण आजनुय तग धरुन आसा हे विशेश. शांतीकायेचो महतव समजपी आनी ताचो आस्वाद घेवपी काशेले पर्यटकांनी गांवगिऱ्या वाठारात  रावुन सैमासयत आपापल्या परीन नवे वर्साक येवकार दिवप पंसत केल्याचे चित्र ह्यावेळार दिसले. सध्या गोंयोच्य रसत्याचेंर महाराश्ट्र, कर्नाटक, दिल्ली, हरयाणा,तेंलगणा, ह्या गाडयाचें प्रमाण वाडील्लयान रस्त्याचें काय प्रमाणात येरादारीची कोंयडी दिश्टीक पडली. ह्या सगळ्या फाटंभुयेरं गोंय पुलिशेन आयज  कडक आनी चोख  पुलिस बंदोबसत  राज्यभर दवरला. जाल्यार 100 वयर थळांचेर  नाकाबंदी करुन चेकीगं सुरु आशिल्याचे दिसले. नवे वर्साक येवकार दिवपाक  वीवा गोवा मुड आयज एकदंर सगळीकडे पळोवपाक मेळो. आता निमणे  रातच्य 12 वरांक  कावंट डावन दिवन 2026 च्या नव्या दिसाक म्हणल्यारुच 1 जानेवारी 2026 येवकार दिवपाची उमळशीक तरमाट्याच्य मुखार पळओवपाक मेळ्ळी

मुखेल वेंचणूक अधिकारी डॉ. संजय गोयल हाणी समावेशी लोकशाय पद्दती आनी सहभाग घटमूट करपाहेतन 'समाजातल्या वंचित घटकांच्या सक्षमीकरणाखातीर लोकशाय' ह्या विशयावेल्या एका बसकेची येजामान्की चलयली . हे बसकेंत गोंय विद्यापीठ, व्ही.एम.सालगांवकार लॉ कॉलेज आनी आयपीएचबी, बांबोलीचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले, तातूंत डॉ. राहुल त्रिपाठी, सहाय्यक. प्रा.रवजी गावकर, डॉ शाबर अली, सुदेश गावाडे आनी सपना नायक बांदोडकर, हे वेंचणुक नोडल अधिकारी आनी राज्य प्रशिक्षण नोडल अधिकारी हन्चो आस्पाव जाता.आंतरराष्ट्रीय आयडीईएचो अध्यक्ष म्हूण भारताच्या फुडारपणाचेर आनी समावेशक लोकशाये वरवीं वंचित आशील्ल्या विभागांक सशक्त करपा खातीर जायत्या सामुहीक यत्नांचेर ह्या चर्चेत भर दिलो.लोकशाय

आदर्शांचे पालन करपा खातीर आनी लोकशाय प्रक्रियेंत वंचित वर्गांक  मान मेळचो आनी तांचें प्रतिनिधित्व मेळचें हे खातीर सामुहीक यत्न करचे असो उलो ह्या बसकेवेळार मारलो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान  अौंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 19.5  अौंश सेल्सिअस नोंद जाला.तशेच मुरगावात चडात चड तापमान३3 .अौंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 19.5 अौंश सेल्सिअस नोंद जाला . तशेच राज्यात हवामान  सुके  आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला

गोंय विद्यापीठ 02 जानेवारी 2026 दिसा सकाळीं 10:00 वरांचेर आपलो हॉकी मेन पंगड तयार करपा खातीर निमाणी निवड चांचण्यो करतले. चांचण्यांक हाजीर रावपाची इत्सा आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी सकाळीं 09:30 वरांचेर दयानंद बांदोडकर कृपा संकूल, पड्डेम, मापुसा हांगाच्या हॉकी टर्फांत कॉलेजीची वळखपत्र, आधार कार्ड, जल्म प्रमाणपत्र आनी खेळपाची किट हांचे वांगडा तीक्ष्ण अहवाल दिवंक शकता.

वेस्ट झोन इंटर युनिव्हर्सिटी हॉकी मेन चॅम्पियनशिप 2025-26 ही एल.एन.सी.टी युनिव्हर्सिटी, भोपाळ हांगा 12-16 जानेवारी 2026 मेरेन जावपाची आसा.

तशेंच म्हाविद्यालयांनी विनंती केल्या की, वयर सांगिल्ल्या तारखेत तांचे खंयचोय हॉकी मेन खेळगडो निवडी खातीर उपलब्ध ना जाल्यार खेळां विभागाक sports@unigoa.ac.in ह्या ईमेल वरवीं कळोवचें, तांच्या गैरहाजेरीचें कारण दिवन, निवडी खातीर विचारांत घेवपा खातीर.